**लोकांनी वीज ट्रान्सफॉर्मर/यंत्रणांलागी कोयर उडोवचो न्हय**

ता. 15 डिसेंबर 2020

लोकांनी वीज ट्रान्सफॉर्मर, भुंयगत वीज केबल आनी हेर वीज यंत्रणांलागी कोयर वा पिड्ड्यार जाल्ले सामान उडोवचे न्हय, अशें वीज खात्यान लोकांकडेन मागला. असो कोयर वीज यंत्रणांलागी उडयिल्ल्यान उजो लागून वीज यंत्रणां लासपाच्यो घडणूको घडटात आनी वीज खात्याच्या मालमत्तेचे लुकसाण जाता. तशेंच लाशिल्ल्या वीज यंत्रणांची दुरूस्ती करपाक खात्याच्या कर्मचाऱ्यांक त्रास घेवचे पडटा आनी दुरूस्ती जाय मेरेन लोकांक काळखात रावचे पडटा. त्या खातीर लोकांनी वीज यंत्रणांलागी कोयर उडोवपाचे थांबोवचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/722

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji